26 May 2026 6.30PM

डॉ. एस. जयशंकर 80

भारत आणि अमेरिकेन आयज मोलादीक खनिजां आणि दुर्मिळ मूलद्रव्यांचो पुरवठो , खणकाम आणि प्रक्रिया सुरक्षित करपाच्या हेतान एका महत्त्वाच्या द्विपक्षीय कबलातीचेर सयो केल्यो.

दिल्लीत विदेश वेवार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आणि अमेरिकेचे विदेश वेवार सचिव मार्को रुबियो हानचामधी या ऐतिहासिक कबलातीची देवाणघेवाण झाली., हो आराखडो लवचिक आणि वेगवेगल्या प्रकारच्या पुरवठो साखळयांक घठमुठ करतलो अशे विदेश वेवार मंत्रांनी सांगला.; तसेच दोनुय देशांक वित्तपुरवठ्याच्या बाबतीत सहकार्य करपाक आणि महत्त्वपूर्ण खनिजा आनी दुर्मिळ मूलद्रव्यांचे प्रभावी व्यवस्थापन करपाक मजत जातली .अशे तानी मुखार सांगला.

५५ क्वाड

विदेशवेवार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी आज नवी दिल्लीत क्वाड विदेशवेवार मंत्र्यांच्या बस्केच्ये अध्यक्षस्थान भूषयले. ह्या बसकेक ऑस्ट्रेलियाचे विदेश वेवार मंत्री पेनी वोंग, जपानचे वेवार मंत्री तोशिमित्सू मोटेगी आणि अमेरिकेचे विदेश सचिव मार्को रुबियो हाजीर आशिल्ल्ये. मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी एका सोशल मीडिया पोस्टत सांगला की, क्वाड बंदर मुळव्या सुविधांचेर तज्ज्ञ समितीचो विचार करतली.

'अपनापन 60

आयज नवी दिल्लीत आदले उपराष्ट्रपती एम. व्यंकय्या नायडू आणि आदले प्रधानमंत्री एच. डी. देवेगौडा हांचा हस्तुकी 'अपनापन: नरेंद्र मोदी के संग मेरे अनुभव' ह्या या पुस्तकाचे प्रकाशन जाले. हे पुस्तक केंद्रीय कृषी आणि शेतकरी कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी बरायला. .ह्या वेळार उलयताना श्री. नायडू हाणी सांगला कि दर ऐकल्यान खास करून राजकारणात नव्याने येवपी लोकांनी —हे पुस्तक वाचुंक जाय .

मोदी सरकार

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी आयज नरेंद्र मोदी सरकारचो १२ वर्षांचो कार्यकाळ पूराय जाल्यान कौतुक केले आणि या काळाचे वर्णन भारताच्या सांस्कृतिक आनी विकासात्मक प्रवासातलो एक 'परिवर्तनकारी टप्पा' अशे केला. एका सोशल मीडिया पोस्टत तानी म्हटला त

की, २६ मे २०१४ हो दिसा. देशाचे प्रशासन, दृष्टीकोन, नेतृत्व आणि राष्ट्रीय निर्धार हातुंत एक निर्णायक बदलाचो साक्षीदार थारलो. कारण ह्याच दिसा. श्री. मोदी हाणी प्रधानमंत्री पदाचो सोपुत घेतील्लो .

PM-WANI

दूरसंचार विभागान 'पंतप्रधान वाय-फाय ॲक्सेस नेटवर्क इंटरफेस' या आराखड्यांखाला वापरकर्त्यां खातीर अनुकूल अशा सुधारणांची मालिका सादर केल्या.या नवीन उपाययोजनांमधी लॅपटॉप आणि दुय्यम उपकरणांखातीर QR-आधारित प्रमाणीकरण, लवचिक आणि अल्प-कालावधीच्या वाय-फाय प्लॅन्सची सुरुवात, तसेच सुलभ ओळख आणि वाढीव विश्वासार्हतेखातीर PM-WANI हॉटस्पॉटच्या नावांचे प्रमाणीकरण हाचो आस्पाव जाता .

घरमंत्री

घुसखोरी आनी हेर कारणांक लागून लोकसंख्येंतल्या बदलाच्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर केंद्रान उचा पांवड्यावेली समिती स्थापन केल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज ह्या समितीचे अध्यक्षपद सर्वोच्च न्यायालयाचे आदले न्यायाधीश प्रकाश प्रभाकर नाओलेकर संभाल्तले अशी म्हायती दिल्या. जनगणना आयुक्त, आदले आय ए एस अधिकारी दुर्गाशंकर मिश्रा, आदले आय पी एस अधिकारी बालाजी श्रीवास्तव आनी अर्थशास्त्रज्ञ डॉ. Dr. Shamika Ravi घर मंत्रालयांतलो संयुक्त सचीव समितींत वांगडी सचीव म्हणून काम करतलो.

हवामान 80

भारतीय हवामान विभागान आयज दिल्लीत उष्णतेच्या ल्हाराक लागून 'यलो अलर्ट' जारी केला. भारतीय हवामान विभागान मध्य प्रदेश, ओडिशा, तेलंगणा, उत्तर प्रदेश आणि विदर्भ या वाठारानी फाल्या मेरेन 'उष्णते खातीर 'रेड अलर्ट' जारी केला. हरियाणा, चंदीगड, दिल्ली, पंजाब, उत्तर प्रदेश आणि राजस्थान हांगा पुढले दोन ते तीन दिसांत उष्णतेची लाट ते तीव्र उष्णतेच्या लाटेची स्थिती निर्माण जाव्पाचो अजमास काढला. छत्तीसगड, आंध्र प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, जम्मू आणि काश्मीर, लडाख, झारखंड आणि उत्तराखंड या भागांत फाल्या मेरेन अशीच स्थिती उरपाची शक्यता आसा.

क्रिकेट 60

आय पी एल प्लेऑफ क्रिकेट सर्तींत , फाटलो विजेतो पंगड रॉयल चॅलेंजर्स बंगळुरू आनी गुजरात टायटन्स पंगडा मधी आयज धर्मशाला हांगा. 'क्वालिफायर १' खातीर खेळ जातलो . हो सामनो साजे ७:३० वरांचेर सुरू जातलो . ह्या सामन्यातालो विजेतो पंगड थेट आय पी एल २०२६ च्या निमणे फेर्येंत प्रवेश करतलो जाल्यार , पराभूत पांगडक 'क्वालिफायर २' नान मध्ये आणिक एक संध मेळटली .